Panaji Regional 29th March 2026 7.20pm

PM

अस्तंत आशियांतली परिस्थितीक लागून आव्हानात्मक काळ निर्माण जाला कारण हो वाठार भारताच्या ऊर्जेच्या गरजांखातीर एक मुखेल केंद्र आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. ते आकाशवाणी वेल्या मन कि बात कार्यवळींत उलयताले.

वावड्यांक बळी पडचे न्हय आनी सरकारान दिल्ले म्हायतीचेर विस्वास दवरचो असो उलो तांणी लोकांक मारला.

प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारताच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचें जनभागीदारीतल्यान दस्तावेजीकरण करपाचो हेतू आशिल्ल्या ज्ञान भारतम् सर्वेक्षणाचेर भर दिलो.

राष्ट्रनिर्माणाची जापसालदारकी पुराय करपाक 'MY Bharat' हाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें.

प्रधानमंत्री उदका संवर्धनाचेर उलयलें. देशाच्या जायत्या वाठारांनी गिमाची सुरवात जाल्ल्यान उदक वाचोवपाच्या संकल्पाचो पुनरुच्चार करपाची वेळ आयल्या अशें तांणी म्हळें.

टी-20 विश्वचषक सर्तींत भारताचे जैत आनी जम्मू-काश्मीरान पयलेच खेपे रणजी ट्रॉफी जिखिल्ल्याचो उल्लेख करत हाली भारतान खेळां मळार मेळयल्ल्या यशाची तोखणाय प्रधानमंत्री मोदी हांणी केली.

Mahesh sir

मच्छीमारी व मत्स्यपालन समाप्ती जागतिक दिसा निमतान गोवा ॲनिमल लिबरेशन मूव्हमेंटतर्फे मांडवी न्हय प्रोमेनेडार जागृताय मोहीम घडोवन हाडली. नुस्तें, खेकडे, ऑक्टोपस ह्या सारख्या जलचर प्राण्यांच्या हितांचो विचार करपाची

गरज अधोरेखित करप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आशिल्लो.आयोजकांनी नमूद केले की हे प्राणी संवेदनशील आणि बुद्धिमान आसात.

ह्या वेळार उलयतना जेमिनी शेट्टीगार हांणी म्हणलें, “या जनजागृती मोहिमेचो उद्देश दिसून न येवपि आणि आवाजनाशिल्ल्या जलचर प्राण्यांक आवाज दिवप हो आसा. तांकां सोंसची पडटा ती वेदना  प्रचंड आसता. समाजान या प्राण्यांची संवेदनशीलता ओळखून आनीक  मानवी आणि शाश्वत जीवनशैलीकडे वाटचाल करची, अशी आमची अपेक्षा आसा.

Mahesh sir

तुये उद्देगीक वसाहत भितरल्या रस्त्यांचें हॉट मिक्स डांबरीकरण कामाचें उक्तावण आमदार जीत आरोळकार हांणी केलें. ह्या वेळार सरपंच अमिता सालगांवकार हाजीर आशिल्ली.

तुये पंचायत वाठारांतल्या 50 हजार चौखण मिटर सरकारी जमनीचेर हंगामी स्वरूपाचे मैदान क्रिकेट मोर्गींक आनी फुटबॉल मोर्गींक उपलब्ध करून दितलेअशी म्हायतो आमदार जीत आरोळकार हाणी दिली. 3 ते 5 एप्रील मेरेन मोरजींत आमदार चषक क्रिकेट सर्त जातली.

Mahesh sir

शिरगाळ धारगळ हांगा श्री महारुद्र हनुमान देवस्थानाचो वर्सुकी वर्धापन दीस मंगळारा 31 तारखेक मनयतले. ह्या निमतान भव्य कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या वेळार आमदार जीत आरोळकार हांचो भोवमान जातलो आनी स्वर संध्या सांस्कृतीक कार्यावळ जातली, तातूंत गायक राजयोग धुरी शास्त्रीय संगीत भक्तीगीतां, नाटक गितां, आनी अभंग सादर करतलो. वेगवेगळे कार्यावळी घडोवन हाडल्यात अशी म्हायती आयोजक समितीन पत्रकार परिशदे वरवीं दिली.

DIP

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान “गोंयांतल्या वारकऱ्यां खातीर मजत येवजण” हे येवजणे खाला गोंयच्या वारकरी (दिंडी) पंगडांची नोंदणी करपाची

प्रक्रिया सुरू केल्या. गोंयच्या वारकरी संप्रदायाक वर्सुकीं पंढरपूर वारींत सहभागी जावपाक आनी भक्ती परंपरा सांबाळून दवरपाक मजत करपा खातीर ही येवजण सुरू केल्या. पंढरपूर वारीच्या काळांत  गोंयच्या वारकरी संप्रदायाची योग्य वेवस्था जावची म्हूण ही येवजण आसा.

गोंयच्या सगळ्यां दिंडी पंगडांच्या प्रमुखांनी विहित नमुन्यातलो अर्ज भरून आवश्यक दाखल्या सयत वेळार सादर करचो. तशेंच दिंडीत सहभागी जावपी वारकऱ्यांची म्हायती आनी तपशील तपासपाक जाय, जेणे करून नोंदणी प्रक्रिया वेवस्थित जातली.

नोंदणी अर्ज संचालनालयाच्या  वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 10 मे 2026 आसा.

IPL

आयपीएल 2026 च्या दुसऱ्या मॅचींत आज  मुंबयतल्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्स कोलकाता नाइट रायडर्स आड खेळटलो. मॅच सांजवेळार 7:30 वरांचेर सुरू जातली. सध्याचो वस्ताद रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरून काल बेंगळुरूंतल्या एम चिन्नास्वामी स्टेडियमात जाल्ले उक्तावणाचे मॅचींत ताणें सनरायझर्स हैदराबादाक 6 विकेटींनी हारयलो.

DIP

त्यागराज स्टेडिएम, नवी दिल्ली हांगा 16 ते 22 एप्रिल 2026 मेरेन जावपी 69 व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तींत टेबल टेनिस खेळा प्रकारात गोंय राज्याचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर अ- 14 चले आनी चलयांचो टेबल टेनिस पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान इंडोर हॉल, कांपाल-पणजी हांगा फाल्या 30 मार्च 2026 दिसा सकाळी 9.30 ते 10.30 वरा मजगती निवड चाचणी आयोजीत केल्या. ह्या निवड चाचणी खातीर संजय शिरोडकर (ZSO) हे प्रभारी अधिकारी आसात.

चाचणीत सहभागीं जावपी खेळगड्याचो जल्म 1 जानेवारी 2012 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय आनी 12 वी वा त्या सकयल्या वर्गात शिकपी

आसपाक जाय, पुण 6 वी इयत्ते सकयल्या वर्गात शिकपी आसपाक फावना. निवड जाल्ल्या खेळगड्यान पात्रताय अर्जा वांगडा दोतोराचो पिराय तपासणी दाखलो जोडपाक जाय. नोंदणी वेळार शाळेचे वळखपत्र आनी खेळां वळखपत्र सादर करपाक जाय.

Weather

कर्नाटक आनी महाराष्ट्रा मजगतीं तयार जाल्लो उणो दाबाचो पट्टो आनी पुर्वे कडल्यान चलपी वाऱ्याक लागून राज्यांत ३०, ३१ मार्च आनी १ एप्रिलाक पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या .

काल शेनवारा राज्यांत कांय सुवातांचेर दमट वातावरण आशिल्लें. चडांत चड आनी उण्यात उण्या तापमानांत वाड कायम आशिल्ली .

आज आयटर पणजेचें चडांत चड तापमान अंश आनी उण्यांत उणें तापमान अंश नोंद जालें. मुरगांवांत चडांत चड तापमान अंश आनी उण्यांत उणें अंश उरलें. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान ३३ ते ३४ अंश आनी उण्यांत उणें तापमान २४ ते २५ अंश आसपाची शक्यता आसा . फाटल्या कांय दिसांनी राज्यांतल्या कांय वाठारांनी दमट हवामान आशिल्लें. जाल्यार सत्तरी म्हालांत कांय सुवातींनी वादळी वाऱ्या सयत पावस पडलो.